**<u>67 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय खेळां सर्तींखातीर निवड चाचणी</u>**

30 नोव्हेंबर 2023

दिल्ली, गुजरात, कोलकाता, तामिळनाडू, मध्य प्रदेश आनी महाराष्ट्र हांगा जावपी 67 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय सर्तींनी गोंय राज्याचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर खेळगड्यांच्या पंगडांची निवड करपाक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान सकयले प्रमाण निवड चाचण्यांचे आयोजन केला.

बॅडमिंटन अ- 17 (चले आनी चलयो) 1 आनी 2 डिसेंबर 2023 दिसा मनोहर पर्रीकर स्टेडियम, नावेली, योगासन अ- 19 (चले आनी चलयो) 5 डिसेंबर 2023 दिसा इंडोर हॉल, कांपाल-पणजी, टेबल टेनिस अ- 19 (चले आनी चलयो) 1 डिसेंबर 2023 दिसा इंडोर हॉल, कांपाल-पणजी, बुध्दीबळ अ- 14 (चले आनी चलयो) 12 आनी 13 डिसेंबर 2023 दिसा मनोहर पर्रीकर स्टेडियम, नावेली, तिरंदाजी अ-17(चले आनी चलयो) 1 आनी 2 डिसेंबर 2023 दिसा, फोंडा खेळां प्रकल्प हांगा निवड चाचणी जातली.

ह्या निवड चाचणी खातीरचे प्रभारी अधिकारी अनुक्रमे श्री.तुळसीदास देसाय (ZSO)- 9923500519, श्री. अनंत सावळ (SSO)- 9975120049, श्री. संजय शिरोडकर (ZSO)- 9518753630, श्री. मंथन आडपाईकर (TSO) - 8080027034, श्री. रोहिदास घाडी (एपीईओ)- 9049921228 आनी श्री. शैलेश गावकर (TSO) - 8788522700 हे आसात.

निवड चाचणीक हजर रावपी खेळगडो शाळा/ज्युनियर कॉलेजीचो नियमित विद्यार्थी आसपाक जाय. खेळगड्यांनी निवड चाचणी खातीर वयल्या संबंदीत तारखेच्या दिसा आनी थळार सकाळी 9.00 वरांचेर प्रभारी अधिकाऱ्याकडेन आपले शाळेचे वळखपत्र/स्पोर्ट्स कार्ड आनी 3 पासपोर्ट आकाराच्या फोटो सयत संपर्क करचो.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/916

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.